22nd June 2025

सकाळी – 8.40

<u>मुखेल खबरो</u>

- अमेरिकेन, इराणांतल्या तीन अणुकेंद्रीय स्थळांचेर हल्लो केला. राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी, हे मोठे यश आशिल्ल्याचे म्हळां.

- ऑपरेशन सिंधु खाला, इराणांतल्यान आतामेरेन सुमार 1 हजार 117 भारतीयांक, सुरक्षीत मायदेशात हाडल्यात.

- केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज, छत्तीसगढातल्या रायपूरांत राष्ट्रीय Forensic विज्ञान विद्यापीठ आनी केंद्रीय Forensic विज्ञान प्रयोगशाळेच्या कॅंपसाची, बुन्याद घालतले.

- हवामान खात्यान आयज कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, गुजरात, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, सिक्किमसंयत साबार सुवातांनी उटनगराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला.

- भारताच्या माया राजेश्वरन, हिणे जर्मनींत बायलांच्या एकोड्या ITF J200 ग्लॅडबेक टेनिस सर्तींचो, खिताब जिखलो.

<u>इझ्राएल- इराण</u>

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें, कि अमेरिकेन इराणांतल्या फोर्डो सयत, तीन अणुकेंद्रीय स्थळांचेर हल्लो केला. सोशल मिडियाचेर तांणी केल्ल्या पोस्टांत सांगलें, की अमेरिकेन फोर्डो, नतान्झ आनी इस्फा-हान हांगाच्या, इराणी अणुकेंद्रीय सुविधांचेर यशस्वीपणान हल्लो केला आनी सगळी विमानां आतां, इराणी हवाई क्षेत्रा भायर आसात. ट्रम्प हांणी म्हळां, कि "बॉम्बचो पुराय पेलोड, फोर्डो हांगा प्राथमीक सुवातेर सोडला. संरक्षण खात्याच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांनीय हाचि पुष्टी केल्या, की जीबीयू-57ए हो, "बंकर बस्टर" बॉम्ब, ह्या हल्ल्यांत वापरिल्लो. दरेका अणुकेंद्रीय लक्ष्या खातीर दोन बॉम्ब तैनात केल्ले. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी सांगलें, कि इराणान आतां, हें झूज सोंपोवपाक मान्य जावपाक जाय.

REV. NEPAL-SRI LANKA-OP SINDHU

ऑपरेशन सिंधु खाला इराणांतल्यान सुमार 1117 भारतीयांक सुरक्षीतपणान भायर काडल्यात. मशद सावन काल रातीं 290 भारतीयांक घेवन एक खाशेले विमान नवी दिल्ली पावले अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां. मशाद सावन आनीक एक विमान काल सांजवेळार 310 भारतीयांक घेवन नवी दिल्लीत पावले.

ऑपरेशन सिंधू खाला इराणांतल्यान आपल्या नागरिकांक परत येवपाक मजत केल्ल्या खातीर नेपाळ आनी श्रीलंकेन भारत सरकाराचे उपकार मानल्यात. नेपाळाचो परराश्ट्र मंत्री आर्जू राणा देउबा हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत विद्यार्थी परत येवपाक मजत केल्ल्या भारताचे परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांचे उपकार मानल्यात. भारताच्या सहकाराक लागून दोनूय देशां मदली घटमूट भागीदारी दिसून येता अशें देउबा हांणी सांगलें.

हाचे आदीं ऑपरेशन सिंधू खाला इराणांतल्यान भारतीय नागरिकां वांगडा आपल्या नागरिकांक वेळार परतून येवपाक सोंपें केल्ल्या खातीर श्रीलंकेन भारत सरकाराचे उपकार मानले. भारत आनी श्रीलंका हांचे मदल्या घटमूट आनी टिकपी भागीदारीची ही एकचाराची कृती म्हत्वाची देख अशें श्रीलंकेच्या परराश्ट्र मंत्रालयान सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां आनी श्रीलंकेच्या लोकांनी हाचे खातीर भारताची खूब तोखणाय केल्या.

नेपाळ आनी श्रीलंका सरकाराच्या विनंती प्रमाण दोनूय देशांतल्या नागरिकांक भायर काडपाचे यत्न केल्यात अशें इराणांतल्या भारतीय दूतावासान सांगलें.

शाह छत्तीसगढ

केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयच्यान, दोन दिसांच्या छत्तीसगडाचे भोंवडेर वतले. ह्या भेटी वेळार ते राजधानी रायपूर आनी नारायणपूर जिल्ह्यांतल्या, वेगवेगळया कार्यावळींनी वांटो घेतलो. घर मंत्री अमित शाह आयज, रायपूरांतल्या राष्ट्रीय Forensic Sciences विद्यापीठ आनी केंद्रीय Forensic Science प्रयोगशाळेच्या कँपसाची, बुन्याद घालतले. सुमार चारशें कोटी रुपया खर्च करून, चाळीस एकर वाठारांत हें विज्ञान विद्यापीठ बांदतले. मंत्री शाह आयज नवा रायपूरांत, सुरक्षा संबंदीत प्रस्नांचेर छत्तीसगढ आनी शेजारच्या राज्यांच्या पुलीस महासंचालक आनी अतिरिक्त पुलीस महासंचालक हांचे कडेन, बसका घेतले. दुसरे बसकेंत, केंद्रीय गृहमंत्री डावपेचवादी अतिरेकी विशीं, सुरक्षेचोय नियाळ घेतले. फाल्यां, छत्तीसगढ भोंवडेच्या दुसऱ्या दिसा केंद्रीय घर मंत्री बस्तर विभागांतल्या नारायणपूर जिल्ह्यांतल्या, अबूझ-माद वाठाराक भेट दितले आनी थंयच्या गांवकारांकडेन

संवाद सादतले. हाचे भायर मंत्री शहा नारायणपूर जिल्ह्यांतल्या इर्क-भट्टी वाठारांत आशिल्ल्या, शिम सुरक्षा दळाच्या शिबिराकय भेट दितले आनी जवानांकडेन संवाद सादतले.

ब्राझील अपघात

ब्राझीलांत काल रातीं दक्षिणेक सांता कॅटरीनातल्या, प्राय ग्रांडे हांगा, hot air balloon अपघातांत उण्यांत उणे आठ जाणांक मरण आयलें. गव्हर्नर जॉर्जिन्हो मेलो हांणी, 21 लोक बोटींत आशिल्ल्याची खात्री केल्या. तातूंत पायलट सयत 13 जाण सुरक्षित आसात. भलायकी केंद्रा लागसार हो अपघात जाला. पायलटाच्या म्हणण्या प्रमाण, उजो लागिल्ल्यान ताका, बलुन सकयल देवोवचो पडलो. जमनीर लागीं पावतकच, ताणें प्रवाशांक उडी मारपाची, सुचोवणी दिली. ब्राझीलाचो राष्ट्राध्यक्ष लुईझ इना-सिओ लुला दा सिल्वा हाणी, हे घडणुकेचेर दुख्ख उक्तायलें.

श्रीपाद नायक

नवी आनी नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री 'श्रीपाद नायक हांणी काल पोरन्या गोंयांतल्या, इगर्जी आनी कॉन्व्हेंटांच्या लॉनांत, 11वो आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयलो. ह्या संदभार उलयतना तांणी निरोगी कुड, मन आनी शांत संवसार वाडोवपाक, योगाची भुमिका उक्तायली. योग म्हळ्यार एक आध्यात्मिक प्रवास आसून, तातूंतल्यान एकचार आनी भितरले बळगें वाडटा, हांचेर मंत्री नायक हांणी भर दिलो. तशेंच 2015 वर्सा, आंतरराष्ट्रीय योग दीस सुरू जाल्ल्याचोय उगडास करून, संवसारीक मळार हो दीस सुरू केल्ल्याचें श्रेय, तांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका दिलें.

IMD

हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेश, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, गुजरात, उदेंत राजस्थान, दक्षिण हरियाणा, पंजाब, उत्तर प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास काडला. आयज झारखंड, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, दिल्ली, केरळ आनी दर्यादिगेवेल्या कर्नाटकांत मुसळधार पावस पडपाची शक्यताय आसा.

गुजरात दर्यादेग, पुराय कोंकण दर्यादेग, सोमालिया दर्यादेग आनी लागसारच्या दर्या वाठारांनी, ओमान आनी लागसारच्या यॅमॅन दर्यादेग आनी लागसारच्या दर्या वाठारांनी, मध्य आनी लागसारच्या उत्तर, दक्षिण अरबी दर्या आनी ईशान्य अरबी दर्याच्या जायत्या वाठारांनी नुस्तेमारांक वचचे न्हय असो सल्लो हवामान खात्यान दिला. तशेंच उत्तर आंध्र प्रदेश दर्यादेग, बंगालच्या मध्य, नैऋत्य आनी आग्नेय खाडीचे उत्तर भाग आनी अंदमान दर्याच्या जायत्या वाठारांनी नुस्तेमारांक वचचे न्हय असो सल्लो दिला. तमिळनाडू, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश आनी रायलासीमात उश्ण आनी दमट हवामान आसपाची शक्यताय आसा.

## टेनिस -

टेनिसांत, भारताच्या माया राजेश्वरान, जर्मनींत जाल्या बायलांच्या एकोड्या ITF J200 ग्लॅडबेक, सर्तींत जैत मेळयलां. 16 वर्सां पिरायेच्या माया राजेश्वरान फायनलींत, स्विट्झर्लंडाची नोएलिया मान्टा हिका 6-2, 6-4 अशे हरयले. तांणी युरोपीय मातयेर, पयलो आयटीएफ ज्युनियर खिताब जाला. ताचे आदीं उपांत्य फेरयेंत तिणें फ्रांसाची डाफ्नी म्पेत्शी पेरिका-र्डाक 6-2, 6-1 अशे हरयल्ले. मायाचो हो सातवो ITF ज्युनियर खिताब आसा. आदल्या खिताबांत, जे100 आनी जे300 सर्तींनी तांणी जैत मेळयल्लें. हातूंत 'जे' म्हळयार ज्युनियर आनी आंकडो सर्तीची ग्रेड दाखयता. सर्तींत चड आंकडे, हे सर्तीच्या उंचेल्या पांवड्याचें आनी चड क्रमवारी गुणांचें, प्रतिनिधित्व करतात.

## Cricket

हेडिंग्ले, लीड्स हांगा जावपी अँडरसन-टेंडलकर ट्रॉफी क्रिकेट मॅचीच्या पयल्या कसोटी मॅचीच्या तिसऱ्या दिसा इंग्लंड आयज पयल्या डावांत 3 बाद २०९ धांवड्यां वयल्यान मुखार खेळपाक सुरवात करतलें. ताचे आदीं भारतान काल तीन विकेटी वगडावन 359 धांवड्यांचेर परतून डाव सुरू केलो आनी पुराय पंगड 471 धांवड्यांचेर आऊट जालो.